# दिव्यांगांखातीर मोलावणी शिबीरां

ता. 31 जानेवारी 2018
11 माघ 1939

समाज कल्याण संचालनालय  आलीमको जबलपूर हांच्या सहकार्यान दिव्यांग व्यक्तिंक उपकरणां दिवपाखातीर गोंयात मोलावणी शिबीरांचे आयोजन केला.

ता. 2 फेब्रुवारी दिसा संजय विशेश शिक्षण केंद्र बोगदा–वास्को, मुरगांव ता. 3 फेब्रुवारी दिसा श्री गुजराती समाज मुक–बधीर शाळा दवर्ली मडगाव आनी धारेश्वरी देवस्थान सभाघर धारबांदोडा, ता. 5 फेब्रुवारी दिसा लोकविश्वास प्रतिष्ठान दिव्यांग शाळा ढवळी फोंडा आनी सांगे नगरपालिका सांगे, ता. 6 फेब्रुवारी दिसा केपे नगरपालिका केपे आनी 7 फेब्रुवारी दिसा मामलेदार कार्यालय काणकोण हांगा सकाळी 9.00 ते साजेच्या 5.00 मेरेन मोलावणी शिबीर जातले.

अंध, श्रवणदोश, मानसिकदोश, शारीरिक दिव्यांग भुरग्यांक ट्राय सायकल, विलचेअर, क्रचिस, ब्रेलट्रिप, ब्रेलकेन, स्मार्ट फोन, कृत्रिम, पायं, वॉरलिंग स्टीफ, आयकुपाच्यो उपकरणां, रोलेटर्स, लालीपस अशो उपकरणां दितल्यो. दिव्यांग व्यक्ति 40 टक्क्यापरस चड अपंगूळ आसपाक जाय आनी वसुर्की येणावळ 1.80 मेरेन आसची.

मोलावणी शिबीराक येतना दिव्यांगांनी आधार कार्ड, येणावळ दाखलो, दिव्यांग दाखलो, वळखपत्र आनी हेर गरजेचे दाखले वांगडा हांडचे.